# राश्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो (एनएफएसए), 2013 च्या कलम 10 खाला सवलतीच्या दरांत धान्य मेळोवपाक पात्र थारपी कुटुंबांची निवड करपा विशीचीं मार्गदर्शक तत्वां

## I. राश्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो (एनएफएसए) म्हणल्यार कितें?

सगल्या भौसाक परवडपासारक्या दरांत जाय तितल्या आनी पुश्टीक अन्नाची पुरवण जावची. तेवरवीं सन्मानाची जीण जगताना मनीस जिणेची माळ अखंडीत चालू उरची म्हणून अन्न आनी पुश्टीक सुरक्षा आनी ते संबंदीत हेर सगल्यो गजाली दिवप हो ह्या कायद्याचो मुखेल हेत आसा.

एनएफएसए च्या विभाग 4 कलम 10 प्रमाणे राज्य सरकारान फुडें दिल्लीं मार्गदर्शक तत्वां निश्चीत करपाची गरज आसा. ह्या कायद्याचो लाव मेळपी प्राधान्य कुटुंबां निश्चीत करपा खातीर लागपी मार्गदर्शक तत्वां फुडले प्रमाणे आसतलीं –

एनएफएसएच्या विभाग, 4 कलम 10 त म्हणलां ते प्रमाणे :

कलम 9 त निर्देशीत केल्लें गांव व शार वाठारांतल्या लोकांचें प्रमाण राज्य सरकार थारायतलें –

(अ) कलम 3 च्या उपकलम (I) खाला दिल्लें प्रमाण तशेंच येवजणेक लागू आसपी मार्गदर्शक तत्वांक धरून अंत्योदय अन्न येवजणे सकयल्या पात्र कुटुंबांची निवड करतले.
(ब) राज्य सरकार तयार करतलें त्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणे भौशीक वितरण पद्धती सकयल हेर निर्धारीत प्राधान्य कुटुंबांची निवड करतले.

## II. प्राधान्य कुटुंबांची निवड (पीएचएच)

फुडें दिल्ले पात्र निकश पुराय करपी कुटुंबांक एनएफएसए कायद्या सकयले वळेरेंत आसपावीत करपाक पात्र मानतले

### तकटो -1

| व. क्र. | विभाग I<br>निकश | विभाग II<br>व्याख्या | विभाग III<br>निकशांक पात्र थारपा खातीर लागपी कागदपत्रां * |
|---|---|---|---|
| 1. | अंत्योदय येवजण (एएवाय) | नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान दिल्लीं एएवाय रेशनकार्डां आसपी सगलीं कुटुंबां | नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान दिल्लें एएवाय रेशनकार्ड |
| 2. | दळडीर रेशे सकयल (बीपीएल) येवजण | नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान दिल्लीं बीपीएल रेशनकार्डां आसपी सगलीं कुटुंबां | नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान दिल्लें रेशनकार्ड वा ग्रामीण विकास खात्यान दिल्लीं कार्डां |
| 3. | रु. 50 हजारां परस उणी येणावळ आसपी कुटुंबां | वट्ट वर्सुकी येणावळ रु. 50 हजारां परस उणी आसपी, ग्रामीण विकास खात्यान मान्यताय दिल्लीं सगलीं कुटुंबां | महसूल खातें / एखादो राजपत्रीत अधिकारी हांणी दिल्लो येणावळ दाखलो / कुटुंबाची वर्सुकी येणावळ रु. 50 हजारां परस उणी आसा म्हणपाचें दाखोवपी समाजीक, अर्थीक आनी जात लोकमेजणी (एसईसीसी) अहवालाची प्रत. |
| 4. | अनुसूचीत जमाती (एसटी) | अनुसूचीत जमाती कल्याण खात्यान अनुसूचीत जमात कुटूंब म्हणून जाहीर केल्लें आनी रु. 50 हजारां परस उणी वर्सुकी येणावळ आसपी कुटूंब | पात्र प्राधिकारिणीन दिल्लो अनुसूचीत जमातीचो दाखलो आनी महसूल खातें / राजपत्रीत अधिकारी हांणी दिल्लो येणावळ दाखलो |
| 5. | अनुसूचीत जाती (एससी) | अनुसूचीत जमाती कल्याण खात्यान अनुसूचीत जाती कुटूंब म्हणून जाहीर केल्लें आनी रु. 50 हजारां परस उणी वर्सुकी येणावळ आसपी कुटूंब | पात्र प्राधिकारिणीन दिल्लो अनुसूचीत जातीचो दाखलो आनी महसूल खातें / राजपत्रीत अधिकारी हांणी दिल्लो येणावळ दाखलो |
| 6. | हंगामी रावपी | घर नाशिल्ले वा तात्पुरत्या घरांत रावपी | हंगामी घरांत रावपी कुटूंब म्हणून नोंद दाखोवपी समाजीक, अर्थीक आनी जात लोकमेजणी (एसईसीसी) अहवालाचो सारांश |
| 7. | झोपडपट्टी | शार नगरनियोजन खात्यान झोपडपट्टी म्हणून जाहीर केल्ल्या घरांत रावपी सगलीं कुटुंबां | कुटूंब रावता तें घर झोपडपट्टी म्हणून नोंद दाखोवपी समाजीक, अर्थीक आनी जात लोकमेजणी (एसईसीसी) अहवालाचो सारांश |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 8. | कच्चें घर / खोंप | कच्चें घर वा खोंपींत रावपी सगलीं कुटुंबां | कच्चें घर / खोंपींत कुटूंब रावता अशी नोंद आसपी समाजीक, अर्थीक आनी जात लोकमेजणी (एसईसीसी) अहवालाचो सारांश |
| 9. | फेरवसणूक आनी पूनर्वसन | पूनर्वसन मंडळ (जीआरबी) वा उदकास्त्रोत खात्यान (डब्ल्यूआरडी) फेरवसणूक आनी पूनर्वसणूक वाठार म्हणून अधिसूचीत केल्ल्या वाठारांत रावपी सगलीं कुटुंबां | गोंय पूनर्वसन मंडळ (जीआरबी) वा उदकास्त्रोत खात्यान (डब्ल्यूआरडी) दिल्ल्या प्रदानपत्राची प्रत |
| 10. | दयानंद समाजीक सुरक्षा येवजण (डीएसएसएस) | समाज कल्याण खात्या वतीन दितात ते दयानंद समाजीक सुरक्षा येवजणेचा लाबार्थी वांगडी आसपी सगलीं कुटुंबां | समाज कल्याण खात्याचें मान्यतायपत्र / कार्ड |
| 11. | गृह आधार (जीए) | बायलां आनी भुरगीं कल्याण खात्या वतीन दितात त्या गृह आधार येवजणेचे लाबार्थी आसपी सगलीं कुटुंबां, जांची वट्ट वर्सुकी येणावळ रु. 50 हजारां परस उणी आसा | बायलां आनी भुरगीं कल्याण खात्याचें मान्यतायपत्र आनी महसूल खातें / राजपत्रीत अधिकारी हांणी दिल्लो येणावळ दाखलो |
| 12. | तृतियपंथी / एचआयव्ही / एडस् दुयेंती | खंयचेंय कुटूंब जातूंत एखादो तृतियपंथी / एचआयव्ही / एडस् दुयेंती रावता आसत जाल्यार | गोंय राज्य एडस् नियंत्रण सोसायटीन दिल्लें सूचनापत्र (जीएसएसीएस) # |
| 13. | शारिरीक / मानसीक अपंगूळ | खंयचेंय कुटूंब जातूंतलो एखादो वांगडी शारिरीक वा मानसीक अपंगूळ म्हणून घोशीत केल्लो आसा | पात्र प्राधिकारिणीन दिल्लो अपंगूळपणाचो दाखलो |
| 14. | एकोडी अस्तुरी अवलंबितासयत | एकोडी आंकवार वा विधवा वा घटस्फोटीत अस्तुरी कुटूंब मुखेली आसपी कुटूंब आनी / वा ज्या कुटुंबांत अवलंबीत आसात अशें कुटूंब जांची वर्सुकी येणावळ 1.2 लाखां परस उणी आसा | महसूल खातें / राजपत्रीत अधिकारी हांणी दिल्लो येणावळ दाखलो आनी कुटुंबांत अवलंबीत आसपी / नासपी एकोडी अस्तुरी आसा म्हणपाचें निवेदनपत्र |
| 15. | अनाथ आनी अल्पवयीन | घरांत जाणटीं मनशां नाशिल्ले वा अल्पवयीन मुखेली आसपी कुटूंब | अनाथ वा अल्पवयीन कुटूंब मुखेली आसपी राजपत्रीत अधिकाऱ्याचो दाखलो |
| 16. | अकुशळ कामगार गट | अकुशळ कामगार म्हणून काम करपी कुटूंब, नुस्तेमारी आनी कावल अड्ड्यांसयत | स्वताचें निवेदन |
| 17. | आलाशिरो नासपी | आलाशिरो नासपी लोकांक आलाशिरो दिवपी संस्था / संघटना | सरकारी नोंदणीकृत वा विश्वस्थवेवस्था हांणी स्थापन केल्ल्यो संस्था / संघटना, देखीक. अपना घर, वृद्धाश्रम. |

* अर्जदारान स्वताच प्रमाणीत केल्लीं कागदपत्रां स्वीकारतले.

# गोंय राज्य एडस् नियंत्रण सोसायटीच्या (जीएसएसीएस) अहवाला प्रमाणे, खातें ह्या गटाचो स्वताच प्राधान्य गटांत आसपाव करतलें. लाबधारकांक अर्ज करपाची गरज पडची ना.

तकटो 1 तल्या अर्जदारांनी (व. क्र. 3, 4, 5 आनी 14 सोडून) येणावळ दाखलो दिवपाची गरज ना. येणावळ, वेवसाय आनी पात्रताय वळेरेंतल्यान काडून उडोवंक नात हेविशींचें स्वताचें प्रमाणपत्र पुरो जातलें. गरज पडलीच जाल्यार सरसकटपणान कांय अर्जांची वा कागाळ आसपी अर्जांचीच छाननी करतले. आलाशिरो नासपी, एकोडी अस्तुरी, सुरक्षा नासपी भुरगीं, रोजगार नासपी भुरगीं ह्या गटांचे बाबतींत स्वताचें प्रमाणपत्र ग्राह्य धरतले. तकटो 1 तल्या व. क्र. 3, 4, 5 आनी 14 मदल्या अर्जदारांक येणावळ पुरावो सादर करचो पडटलो.

## III. गटांतल्यान वगळावपाचे निकश

फुडें दिल्ल्या गटांत येवपी कुटुंबांक प्राधान्य कुटुंबां गटांतल्यान वगळावपांत येतलें.

(i) रु. 50 हजारां परस चड वर्सुकी येणावळ आसपी कुटुंबां (व. क्र. 3, 4, 5 आनी 14 ह्या गटांतल्या कुटुंबांकूच लागू)

(ii) कुटुंबांतल्या एखाद्या वांगड्या कडेन हलकें वाहन आसत जाल्यार (चारचाकी)

(iii) कुटुंबाचो एखादो वांगडी केंद्र / राज्य सरकार, थळावी स्वराज संस्था, महामंडळ / केंद्र / राज्य / थळावें सरकार वा सरकारा कडल्यान अनुदान मेळोवपी संस्थाचो कर्मचारी आसत जाल्यार, दिसावड्या वयलो वा कंत्राटी कामगार सोडून.

(iv) घराक 4 किलो वॅट परस चड तांकीची वीज पुरवण आसत जाल्यार (संघटना / संस्था हांकां लागू ना).

(v) तकटो 1 मदल्या व. क्र. 17 खाला येवपी लाबार्थींक हांचे मदलें खंयचेंच तत्व लागू जावचें ना.

## IV. पात्रताये खातीर पुरावो म्हणून सादर करचीं पडपी कागदपत्रां

(i) तकटो 1 मदल्या खंयच्याय गटा खातीर नमूद केल्लें प्रमाणपत्र

(ii) कुटुंबांतल्या सगल्या सज्ञान वांगड्यांची वेंचणूक वळखपत्र प्रत.

(iii) कुटुंबांतल्या सगल्या वांगड्यांच्या आदारकार्डाची प्रत (उपलब्ध आसा ताची)

(iv) अर्जदाराक बँक खात्याचो तपशील दिवचो पड़टलो.

(v) आदारकार्डाचेर दिल्ल्या पत्त्याचेर तिचो राबितो नासत जाल्यार, अर्जदाराचो राबितो दाखलो (सध्या रेशनकार्ड आसत जाल्यार आनी संस्था / संघटना हांकां ही अट लागू ना).

(vi) रेशनकार्ड आसत जाल्यार ताची फोटू प्रत.

(vii) वगळावपात आयिल्ल्या खंयच्याच गटांत अर्जदार येना म्हणपाचें थारायिल्ल्या नमुन्यांतलें निवेदनपत्र.

(viii) सरकारान आदेश काडून थारायिल्ले कालमर्यादेंत अर्जदाराक घराब्यांतल्या सगल्या सज्ञान वांगड्यांचे बायोमेट्रिक्स् सादर करचे पडटले. अशे तरेन थारायिल्ले कालमर्यादेंत बायोमेट्रिक्स् सादर करीनात त्या कुटुंबांक, बायोमेट्रिक्स् सादर करीमेरेन प्राधान्य गट वा एएवाय गट हातूंतल्यान वगळायतले.

## V. अर्ज कसो करप

राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो 2013 तले तजविजे प्रमाणे सवलतीच्या दरांत धान्य दिवपा खातीर तयार करतात ते पात्रताय वळेरेंत कुटुंबांचो आसपाव करपा खातीर, जाहीर कळोवणी दिवन लोकां कडल्यान अर्ज मागयतले.

कुटुंबांतले ज्येश्ट अस्तुरेक कुटूंब मुखेली मानतले (एचओएफ). (हो नेम संस्थांक लागू ना. संस्थेचो मुखेली आसपी अधिकाऱ्याक कुटूंब मुखेली मानतले.) सरकारान थारायिल्ल्या नमुन्यांत अर्ज सादर करचो पडटलो.

## VI. अर्ज सादर करपाची सुवात

संबंदीत तालुक्यांतल्या नागरी पुरवण खात्याच्या कार्यालयांत आनी / वा गांव पांवड्या वयले थळावे स्वराज संस्थेच्या कार्यालयांत अर्ज स्वीकारतले. हे अर्ज ऑनलायन करप शक्य जावचें म्हणून आदार करपाचे यत्न करतले.

## VII. पात्र प्राधान्य कुटुंबांक मान्यताय आनी निमाणी वळेरी तयार करपाची पद्धत.

(i) अर्जांची छाननी करतले. अर्जदार आनी / वा कुटुंबांतल्या हेर वांगड्यांचे फोटू आनी डेमोग्राफिक तपशील परत मेळोवचो पडचो न्हय म्हणून आदारकार्ड वा सरकारा कडेन उपलब्ध आसपी हेर म्हायतीचो उपेग करून अर्जदार आनी कुटुंबांतल्या हेर वांगड्यांची म्हायती मेळयतले. ताका लागून बनावट वा बोगस कार्डांक वाव उरचो ना.
(ii) गरज थंय प्रत्यक्ष तपासणी करतले.
(iii) एखादें कुटूंब पात्र आसा अशें जाहीर करचे पयलीं, आपूण ह्या कुटुंबाचो पात्र कुटूंब गटांत आसपाव करपाक सोदतां, अशी जाहीर कळोवणी तालुको अधिकारी काडटलो आनी ती आपल्या खात्याच्या सुचोवणी तकट्याचेर तशेंच खात्याच्या संकेतथळाचेर उणेच सात दीस आदीं उजवाडायतलो.
(iv) पात्र कुटुंबांच्या गटांतले वळेरेंतल्या एखाद्या नांवाक कोणाकूय हरकत घेवपाची आसत जाल्यार वळेरी उजवाडाक आयले उपरांत सात दिसां भितर तालुको अधिकाऱ्या कडेन हरकत नोंद करची पडटली. हे हरकतीचेर तालुको अधिकारी विचार करतलो. अशे हरकतीक प्रतिसाद म्हणून एखादो अर्ज भायर मारचे पयलीं संबंदीत अर्जदाराचें म्हणणें आयकून घेतले.
(v) हरकतीचो अर्ज निकालांत काडले उपरांत तालुको अधिकारी अर्जदार कुटुंबाच्या नांवाचो आसपाव पात्र कुटूंब गट वळेरेंत करतलो.
(vi) अशे तरेन तयार केल्ली वळेरी (ते थळावे स्वराज संस्थे पुरती) नागरी पुरवण खात्याचो तालुको अधिकारी, संबंदीत थळावे संस्थे कडेन तांचें मत आनी हरकती जाणून घेवपा खातीर धाडटलो. ते थळावे स्वराज संस्थेक ही वळेरी उणीच सात दीस उगती दवरून हरकती मागोवच्यो पडटल्यो. ताचे उपरांत ह्यो सुचोवण्यो आनी हरकती थळावे स्वराज संस्थेच्या कार्यकारी मंडळा मुखार दवरून हरकतींचेर तांचें म्हणणें आयकून घेवन तालुको अधिकाऱ्याक शिफारस करची पडटली. तालुको अधिकाऱ्या कडल्यान वळेरी मेळ्ळे उपरांत थळावे स्वराज संस्थेक आपल्यो हरकती, सुचोवण्यो आनी शिफारसीं सयत 30 दिसां भितर वळेरी परत धाडची पडटली. वयर सांगिल्ले मुदतींत वळेरी परत धाडपाक स्वराज संस्थेक अपेस आयलें जाल्यार, थळावे स्वराज संस्थेच्यो कांयच हरकती वा सुचोवण्यो नात, तशेंच तालुको अधिकाऱ्यान तयार केल्ले वळेरेची थळावे स्वराज संस्थेन शिफारस केल्या, अशें गृहीत धरतले.
(vii) थळावे स्वराज संस्थे कडल्यान वळेरी मेळ्ळे उपरांत वळेरी हरकतीं सयत आयिल्ली आसत जाल्यार, तालुको अधिकारी संबंदीत पक्षकारांचें म्हणणें आयकून हरकती निकालात काडटलो आनी 15 दिसां भितर निमाणी वळेरी उजवाडायतलो.

## VIII. एनएफएसए लागू करपाची पद्धत

(i) सरकार अधिसूचीत करतलें ते तारखेच्यान पात्र कुटुंबांक सरकारान थारायिल्ल्या दरान थारायिल्ल्या धान्याचो कोटा दितले. दुकानांक त्या प्रमाणांत धान्य दितले आनी ते विशीं धान्य दुकानदाराक कळीत करतले.
(ii) अशे तरेन निश्चीत केल्ल्या पात्र कुटुंबांची रेशनकार्डां छापतले वा टप्प्याटप्प्यान नव्यान स्मार्टकार्डां दितले. नवीं रेशनकार्डां दितात ते मेरेन सध्याच्या कार्डाचेर स्टॅम्प मारून फावो त्या गटांत म्हणल्यार एएवाय वा प्राधान्य कुटूंब गटांत एनएफएसए 2013 खाला ही कार्डां पात्र आशिल्ल्याचें नमूद करतले. हीं कार्डां बाळगुप्यांक सध्याच्या कार्डांचेरूच थारायिल्लें धान्य मेळत रावतलें.
(iii) एनएफएसए कायद्यांतल्या तरतुदीं प्रमाणे कुटुंबांतले ज्येश्ट अस्तुरेचें नांव कुटूंब मुखेली म्हणून नमूद करतले आनी ह्या नव्या रेशनकार्डाचें नांव ''गोंय अन्न सुरक्षा कार्ड'' अशें करतले.
(iv) कुटूंब मुखेली आनी हेर वांगड्यांचे फोटू आनी हेर तपशील घेतले आनी / वा यूआयडी वा एपिक कडल्यान आयात करतले. उपलब्ध आसपी वांगड्यांचीं आदारकार्डां घेवन तांचे वयली म्हायती डेटाबेसांत घालतलं. कार्ड दिवचे पयलीं दर एका कुटुंबाच्या मुखेल्या कडल्यान, आपले कुटुंब वगळायिल्ल्या गटांत येना, अशें निवेदन घेतले.
(v) नव्या रेशनकार्डाचे डेटाबेसींत आदारकार्ड क्रमांक (उपलब्ध आसतलो थंय) कुटुंबांतल्या सगल्या सज्ञान वांगड्यांचे एपिक (वेंचणूक वळखपत्र) क्रमांक (सक्तीचे) आसतले. बनावटगिरी टाळपा खातीर हे म्हायतीचो वापर करतले. खात्यान थारायिल्ले मुदतींत एपिकाची प्रत दिलीना जाल्यार, वा अर्जांत वा निवेदनपत्रांत मुद्दामा चुकीची म्हायती दिली जाल्यार, गरजेची म्हायती दिता मेरेन अशा कुटुंबांचीं नांवां एएवाय / प्राधान्य गटांतल्यान भायर काडटले.

## IX. आदार कूड

अर्जदारांक मार्गदर्शन करप तशेंच अर्ज भरपाक आदार करप ह्या हेतान दरेका तालुको कार्यालयांत आदार कूड उगडटले. हे आदार कुडींत अर्ज आनी तांचे वांगडा जोडिल्ल्या कागदांची मुळावी छाननी करतले आनी गरजेच्या कागदपत्रां सयत अर्ज सादर करपाक अर्जदाराक आदार करतले. ताका लागून मान्यताय पद्दतीक गती मेळटली आनी अर्जदारांचे त्रास उणे जातले.

## X. प्रसिद्धी आनी जागृताय

एनजीओ, लोकप्रतिनिधी आनी हेर वेगवेगळ्या माध्यमांच्या आदारान लोकां कडेन संपर्क करतले.

राज्यातली समाजीक, अर्थीक आनी जात लोकमेजणी, घरां नाशिल्ल्या लोकांचें सर्वेक्षण असल्या येवजण्यांत आसपाव आशिल्ल्या कुटुंबां कडेन संपर्क करून तांणी हे येवजणेचो लाव घेवचो म्हणून उर्बा दितले. ह्या मार्गदर्शक तत्वांक भरपूर प्रसिद्धी दितले.